# <u>मतदार नोंदणी खातीर विशेश मोहिम</u>

ता. 3 नोव्हेंबर 2023

मुखेल निर्वाचन अधिकाऱ्याच्या कार्यालयांन राज्यांत 4 आनी 5 नोव्हेंबर तशेंच 25 आनी 26 नोव्हेंबर 2023 (शेनवार आनी आयतार) दिसा विशेश मतदार नोंदणी मोहिम आयोजीत केल्या. ह्या मोहिमेच्या दिसा बीएलओ मतदार वळेरी आनी आवश्यक अर्जांसयत सगळ्या मतदान केंद्रांचेर उपलब्ध आसतले. लोकांनी आनी राजकीय पक्षांनी मतदार वळेरीची तपासणी करची आनी मतदार वळेरींत नवीन नावांचो आस्पाव करप, नांवां वगळप वा दुरूस्ती करपाक आवश्यक अर्ज भरून दिवचे.

तशेंच 1 जानेवारी 2024 दिसा पिरायेची 18 वर्सां पुर्ण करप्यांची नांवां मतदार वळेरींत आस्पावीत करपात येतली. नवीन मतदार नोंदणी करपा खातीर विशेश मतदार नोंदणी मोहिमेच्या दिसा लागीच्या संबदीत मतदान केंद्राचेर वचून मतदार नोंदणीचे अर्ज भरून दिवचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/862

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.